# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक स्वातंत्र्य दिसानिमतान परबीं

ता. 14 ऑगस्ट 2024

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक भारतीय स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, भारतीय स्वातंत्र्तायेच्या ह्या कीर्तवंत आनी शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता. आयज आमी आमच्या स्वातंत्र्य सैनिकांनी भारतीय राष्ट्रीय चळवळींत केल्ल्या त्यागाचो व्हडा आदरान उगडास करतात. परकीय राजवटी पासून आमकां मोलादीक स्वातंत्र्य मेळोवन दिल्ले खातीर आमी तांकां आदराच्या भावनेन नमन करतात. तांच्या त्यागाक लागून भारत ही जगातली व्हड लोकशाय जाल्ली आसा.

आयज आमी अभिमानान आनी सन्मानान आमच्या स्वातंत्र्य चळवळीतले फुडारीं महात्मा गांधी, पंडित जवाहरलाल नेहरू, सरदार वल्लभभाई पटेल, नेताजी सुभाषचंद्र बोस, जयप्रकाश नारायण, औरबिंदो घोष, महर्षी दयानंद सरस्वती, मौलाना अब्दूल कलाम आझाद आनी अशां हेर म्हान व्यक्तिंच्या निसुवार्थ त्यागाचो उगडास करूया. तशेंच आमी आमच्या पराक्रमी चळवळीतल्या प्रत्येक शुरवीर सैनिकांचो उगडास करून आमच्या स्वातंत्र्य चळवळीक योगदान दिल्ल्या सगळ्यांक आमी आर्गां ओपुया. आयज आमी तांच्या त्यागाक लागून लोकशायेच्या कीर्तवंत परंपरेत सूख भोगतात. ह्या उमेदीच्या प्रसंगार आमी आमच्या देशाची बुन्याद ज्या मुल्ल्यांचेर आनी तत्वांचेर उबारिल्ली आसा, त्या आदर्शांप्रती स्वता समर्पित जावया. हो दीस फकत दाखोवपा पुरतो प्रसंग जावचो न्हय, जाल्यार हो दीस जगातल्या प्रत्येक भारतीया खातीर अभिमानाचो आनी आमच्या देशाक जगात व्हड करपा खातीर कटीबद्द जावपाचो दीस जावचो.

स्वातंत्र्य दीस आमकां आमी व्हड समाजाचो भाग आशिल्ल्याचो उगडास करून दिता. जगातल्या व्हड लोकशायेतलो अशा प्रकारचो हो व्हड आनी चड म्हत्वाचो नागरीक समाज आसा. जात, पात, भाशा आनी धर्मा व्यतिरिक्त आमकां प्रत्येकाक वेगवेगळे खेरीतपण आसा. आमकां आमचे कुटुंब आनी वेवसाया सयत लेगीत वळखतात, पुण एक वळख जीका सगळ्यात वयर स्थान आसा, आनी ती वळख म्हळ्यार "भारताचे नागरीक".ह्या भुयेंत आमकां प्रत्येकाक समान संद, समान हक्क आनी समान कर्तव्यां आसात. भारत देश हो लोकशाय वेवस्थेची जननी जावन आसा आनी पुरातन काळासावन आमच्या देशांत तळागाळांत लोकशाय संस्थांचे कार्य चलताले. पुण दीर्घकाळाच्या परकीय राजवटीक लागून आमच्या लोकशाय वेवस्थेच्या कार्यात व्हड प्रमाणात खंड पडलो. 15 ऑगस्ट 1947 वर्सा भारत देश परकीय राजवटीतल्यान स्वतंत्र जालो.

महात्मा गांधीजींच्या फुडारपणाखाला आनी अनेक फुडाऱ्यांच्या दिव्य नदरेतल्यान राष्ट्रीय चळवळ विशेश विचारांनी प्रेरीत जाली आनी भारताचो आत्मो जागो जालो आनी देशाक आपली सभ्यतायेची मुल्यां परत मेळोवपाक मदत जाली. "सत्य आनी अहिंसा" च्या मार्गान आमी केल्ल्या चळवळी पासून जगातल्या अनेक राजकीय चळवळींक प्रेरणा मेळ्ळी.

राजकीय स्वातंत्र्या वांगडा आमच्या स्वातंत्र्य सैनिकांनी सामाजीक आनी आर्थिक स्वातंत्र्या खातीर आवाहन केले आनी स्वता वावूरले. आमच्या घटनेन "कल्याणकारी राज्य" संकल्पना फुडें हाडली, जीचो अर्थ भारताच्या सगळ्यां लोकांच्यो किमान गरजो पुर्ण करप. आता आमचो देश नेटान फुडें वाटचाल करता, प्रत्येक उद्दीश्ट पुर्ण करपाक प्रयत्न करता आनी हे यश आमच्या खुप लागी आसा. म्हाका सांगपाक खोशी जाता, 2024 च्या जागतीक जीडीपी रँकिंग वळेरींत भारत जगातली पाचवी व्हड अर्थवेवस्था आसा आनी रोखडीच तिसरी व्हड अर्थवेवस्था जावपाची अपेक्षा आसा. स्वतंत्रताये सावन भारतान आव्हांनांचे रूपांतर संदीत केल्ले आसा आनी जीडीपी ची वाड केल्ली आसा.

नव भारताच्या हावेसांक अनंत दिकां आसात. भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संस्थेन नवीन भरारी मारिल्ली आसा आनी एक्सेलन्स मळार उचेली तेंगशी गाठल्या. ह्या वर्सा ISRO न चंद्रयान-3 चे प्रक्षेपण केले. आमचे शास्त्रज्ञ आनी तंत्रगिज्ञानीं देशांक नावलौकिक मेळोवन दितात.

आमच्या गोंय राज्या बाबतीत उलयतना, भारताच्या नकाशाचेर गोंय ल्हान आसले तरी, गोंय राज्याक शांतीकाय आनी सलोख्याच्या परंपरेखातीर वळखतात. भारताच्या स्वतंत्रतायेच्या चौदा वर्सां उपरांत गोंय मुक्त जाले आनी राष्ट्रीय मुखेल प्रवाहात सामील जाले आसले तरी , म्हाका सांगपाक खोशी जाता, की राज्यान विंगड विंगड क्षेत्रांत तोखणायेची उदरगत केल्ली आसा. आयज गोंयांत मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळ,मोपा आनी दाबोळी विमानतळ अशें दोन विमानतळ कार्यरत आसात. आनीक म्हत्वाचे प्रकल्प म्हव्यार रस्ते, इमारतीं, आठ लेनीचो नवो जुवारी पूल, जो देशांतलो दुसरो लांब केबलस्टेड पूल आसा.

गोंय राज्यान G-20 च्या अनेक म्हत्वाच्या बसकांचे आयोजन केले. ह्या बसकांनी अनेक विशयांचेर भासाभास जाली. प्रत्येक बसकेचे बरे तरेन आयोजन करून प्रत्येक बाबतीत बसकां यशस्वी केल्यो.

उपाट सैमिक सोबितकाय, समृध्द जैविक विविधताय, संस्कृतायेचो भंडार आनी सामाजीक एकचाराच्या परंपरेचो आर्शिवाद लाभिल्लें गोंय हे संवसारातले उत्कृश्ट पर्यटन स्थळ आसा. आयज पर्यटन क्षेत्रात वाड जायत आसा. सरकार ईको-पर्यटनाच्या विकासाचेर भर दिता. पर्यटन क्षेत्रात रोजगाराच्यो भरपूर संदी आसात.

आमच्या देशान नव्या संकल्पनां सयत “अमृत काळात ” प्रवेश केल्लो आसा आनी 2047 मेरन “विकसीत भारत” करपा खातीर विकासाच्या मळार प्रयत्न चालू आसात. मानवी प्रयत्नांच्या सगळ्या मळार एक्सेलन्स मेळोवन देशाक प्रगतीच्या उच्च तेंगशेर व्हरपा खातीर आमी आमचें कर्तव्य पार पाडपाचो ह्या वेळार सोपूत घेवया.

गोंयच्या राजभवनान भारत आनी गोंयचो वारसो प्रदर्शीत करपा खातीर आनी पर्यावरण आनी परंपरा सांबाळून दवरपा खातीर कांय उपक्रम सुरू केल्यात.

**वामन वृक्ष उद्यान – बोन्साय उद्यान**

राजभवन वाठारांतले वामन वृक्ष कला उद्यान – बोन्साय उद्यान हे भारतातल्या सरकारी आस्थापनां/प्रशासकीय संस्थांतले सगळ्यांत व्हड बोन्साय उद्यान आसा. ह्या उद्यानात कुंड्यांनी 1000 बोन्साय झाडां लायिल्ली आसात. 17 सप्टेंबर 2022 दिसा सुरवातीक 72 कुंड्यांनी झाडां रोवन वामन वृक्ष कला उद्यानाची सुरवात जाली. राजभवनाच्या तीन लॉनांनी वामन वृक्ष कला उद्यानाचो विस्तार जाल्लो आसा. ह्या उद्यानात अनेक तरेची बोन्साय झाडां आसून सुमार 40 टक्के झाडां राजभवन उद्यानात तयार केल्ली आसा आनी त्या खातीर खास प्रशिक्षण दिल्ले आसा.

**वामन वृक्ष कला उद्यानात भारतीय आयुर्वेदाचे जनक आचार्य चरक आनी शस्त्रक्रिया क्षेत्रांतले जनक आचार्य सुश्रृत हांचो पुतळो बसोवपाचो उपक्रम**

राजभवनान वामन वृक्ष कला उद्यानात भारतीय आयुर्वेदाचे जनक आचार्य चरक आनी शस्त्रक्रिया क्षेत्रांतले जनक आचार्य सुश्रृत ह्या दोगांचो पुतळो उबारपाचो निर्णय घेतला. प्राचीन भारतीय वैजकीशास्त्रातले जनक आचार्य चरक आनी आचार्य सुश्रृत हांणी चरक संहिता आनी सुश्रृत संहिता बरयिल्ली आसा. आचार्य सुश्रृत हांचो पुतळो मेलबॉर्नात नामनेच्या रॉयल ऑस्ट्रेलियन सर्जन कॉलेजीत प्रदर्शीत केल्लो आसा. शस्त्रक्रिया वैजकीशास्त्रले जनक आशिल्ल्या ह्या भारतीय सर्जनान खास करून प्लास्टिक सर्जरी आनी रिन्होप्लास्टी वैजकीशास्त्रात योगदान दिल्ले आसा. तशेंच चरक हे आयुर्वेदाचे जनक आशिल्लें. आयज देशात असंख्य आयुर्वेदीक डॉक्टर तयार जाल्ले आसा. आयज संवसारांत आयुर्वेदीक वैजकीशास्त्राचेर विस्वास निर्माण जाल्लो आसा आनी आयुर्वेदीक उपचार घेवपाचे प्रमाण वाडिल्ले आसात. राजभवनातल्या उद्यानात उबारपात येवपी आचार्य चरक आनी आचार्य सुश्रृत हांच्या पुतळ्यां सयत तांच्या योगदानाची म्हायती प्रदर्शीत करपात येतली आनी समस्त भारतीया खातीर ही अभिमानाची गजाल थारतली.

**राजभवनाचे हेर उपक्रम-**

**श्वेत कपिला गोशाळा** – राजभवनान गोशाळेचे उक्तावण करून ह्या गोशाळेत श्वेत कपिला जातीच्यो गायो पोसपाचो उपक्रम सुरू केला. अशा तरेची ही पयली गोशाळा आसून गोंयच्या श्वेत कपिला गायांचे पालन जाता.

**रक्त चंदन उद्यान-** राजभवनान 73 रक्त चंदनाची झाडां रोयल्यात. सुगंधीत रक्त चंदनाक वैजकीय आनी धार्मिक कार्यात म्हत्व आसा.

**वखदीं झाडांची वाटिका-** राजभवनान वखदीं झाडांच्या वाटिकेत 71 आयुर्वेदीक वैजकीय झाडांची लागवड केल्या. ही वाटिका अभ्यास आनी आयुर्वेदीक वैजकीय झाडांचे जतन करपा खातीर म्हत्वाची थारल्या.

**जैवविविधताय केंद्र-** राजभवन वाठारांतले जैवविविधताय केंद्र अभ्यास आनी संशोधनाचे केंद्र जाल्ले आसा. ह्या वाठारांत अनेक तरेचे पक्षी, पाखें, जिवाणीं आनी हेर प्राणी आनी जीव पळोवपाक मेळटात. विद्यार्थ्यीं, पक्षीप्रेमी, संशोधक आनी हेरां खातीर हो वाठार आकर्शणाचो थारिल्लो आसा.

**कावी कला-** राजभवनान कावी कलेचेर चार दिसांची कार्यशाळा आयोजीत केली. कावी कलेक प्रोत्साहन दिवप, कावी कलेचो सांबाळ करप आनी ह्या कलेची उर्वरीत देशांक आनी जगाक वळख करून दिवप हो कार्यशाळेचो उद्देश आशिल्लो.

आयच्या ह्या स्वातंत्रतायेच्या दिसा हांव परत एक फावट आमच्या देशाच्या सगळ्या नागरिकांक आनी खास करून देशाच्या शीमांचे रक्षण करपी आमचे सैनिक, सैन्य दळांचे जवान, अंतर्गत सुरक्षा दिवपी पुलीस आनी जगातल्या प्रत्येक वाठारांत रावपी वांगड्यांक परबीं भेटयता. हांव तुमकां सगळ्यांक म्हजी परबीं दिता, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/403

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.